**सांखळे त्रिपुरारी पुनव उत्सवानिमतान आयोजीत नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहीर**

ता. 2 डिसेंबर 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालयान त्रिपुरारी पुनव उत्सवानिमतान विठ्ठलापूर सांखळी हांगा वाळवंटी न्हंयत पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

सर्तीचे पयले इनाम घोळटो चषक, रोख रू. 35,000/- आनी प्रशस्तीपत्र तोणयेश्वर बॉयस्, बंदीरवाडो, दुसरे इनाम घोळटो चषक, रोख रू. 30,000/- आनी प्रशस्तीपत्र कलयुगी बॉयस्, विठ्ठलापूर तिसरे इनाम घोळटो चषक, रोख रू. 25,000/- आनी प्रशस्तीपत्र तळकामेश्वर बॉयस् तामिडगीवाडो पर्ये, चौथे इनाम रोख रू. 20,000/- आनी प्रशस्तीपत्र भुमी माजीकवाडो पर्ये आनी पाचवे इनाम रोख रू. 15,000/- आनी प्रशस्तीपत्र एन. सी. बॉयस् विठ्ठलापूर हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी इनाम श्रीक्षेत्रपाल युवक मंडळ, कुडपवाडो-कारापूर, त्रि-किंग्स माजीकवाडो पर्ये, सातेरी एफसी रावण, लालबाग स्पोर्टस् क्लब, विठ्ठलापूर आनी युनिक बॉयस्, गुरववाडो पर्ये हांका प्रत्येकी रोख रू. 8,000/- आनी प्रशस्तीपत्र फावो जाला.

श्री. सागर गावडे, श्री. गोपाळ कुडासकर आनी गोंय कला महाविद्यालयाचे असिस्टंट प्रोफेसर राजेश चोडणकर हांणी सर्तीचे परिक्षण केले.

सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपाचो कार्यक्रम उपरांत आयोजीत करपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/923

--

--

Issued by the

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.




**1st Prize Tonyeshwar Boys Bandirwada Boat No. 21**



**2nd Prize Kaliyugi Boys Vitthalapur Sankhali Boat No. 18**




**3rd Prize Talkameswar Boys Tamidgiwada Parye Boat No. 19**




**4th Prize Bhumi Majikwada Parye Boat No. 20**



**5th Prize N C Boys Vitthalapur Zariwada Boat No. 5**